२७-०४-२०२६

सकाळी: ७.२५

प्रादेशिक खबरो

**धावेच्या परीक्षेचो निकाल**

गोंय माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण मंडळाच्या मार्च २०२६ धावेच्या परीक्षेचो निकाल ९४ पूज्य ५१ टक्के लागला. गोंय शालांत मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेटये हांणी काल सांजे पर्वरीच्या कार्यालयात हो निकाल जाहीर केलो.धावेची परिक्षा १३ मार्च ते ९ एप्रिल २०२६ मेरेन राज्यांतल्या ३२ केंद्रांनी जाली.हे परीक्षेक वट्ट २० हजार ६१८ विद्यार्थी परीक्षेक बशील्ले तातूंतले १९ हजार ४८६ विद्यार्थी पास जाले. दर वर्सा प्रमाण अंदूय निकालात चलयांनीच बाजी मारली. वट्ट ९,८०५ चलयां मदीं ९,४१४ चलयो पास जावन ९६.०१% सरासरी मेळ्ळ्या.१०,८१३ चले १०,०७२ चले पास जावन ९३.१५% सरासरी मेळ्ळ्या.राज्यांतल्या वेगवेगळ्या तालुक्यांमदीं पेडणे तालुक्यान ९८.१६% निकाल मेळोवन पयली सूवात मेळयल्या. हेर मुखेल तालुक्यांमदी• काणकोण: ९६.६५%• फोंडा: ९६.४१%• दिचोली : ९५.९६%• तिसवाडी : ९५.१४% निकाल लागला. खाजगी विद्यार्थ्यांचो निकाल 31.29% लागला.

**गौतम खट्टराक**

सेंट फ्रान्सिस झेवियर हांचेर आक्षेपार्ह विधान करून धर्मीक भावना दुखोवपाच्या आरोपाखाला अटक केल्ल्या गौतम खट्टर हाका काल वास्को न्यायालयान स दिसांचे पोलीस कोठयेचो रिमांड फर्मायलो .

क्राईम ब्रांच पोलिसांनी दोन दिसांआदी कुल्लू हिमाचल प्रदेश हांगा अटक केल्ली. काल ताका वास्को न्यायालया मुखार उबो केलो. वास्को हांगा एके कार्यावळीत उलयताना खट्टर हाणें हे आक्षेपार्ह उलोवप केल्ले.. हिमाचल प्रदेशांतल्या कुल्लू जिल्ह्यांतल्यान अटक केले उपरांत गोंय गुन्यांव फांट्याचे निरिक्षक परेश नायक,

पुलीस उपनिरिक्षक माधव नायक आनी हवालदार नवीन पालयेंकार हांच्या पंगडान आयतारा दनपरां तीन दिसांच्या ट्रांझिट रिमांडाचेर गौतम खट्टराक मोपा विमानतळार हाडलो. ताका रायबंदरच्या गुन्यांव फांट्यांत हाडला. कुल्लू, हैदराबाद आनी उपरांत गोंय असो प्रवास करून पुलीस पंगड दुबाविताक घेवन गोंयांत पाविले .

मन की बात -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल तामिळनाडूतल्या कल्पकमातल्या फास्ट ब्रीडर रियेक्टरान क्रिटीकलीटीची स्थिती हुंपून देशाचो अभिमान वाडयल्ल्याखातीर देशाच्या अणूशास्त्रज्ञांची तोंखणाय केल्या. प्रधानमंत्री काल आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यावळीत उलयताले. क्रिटीकलीटी ही अशी स्थिती आस जंय एखादी अणूभट्टी पयलेच खेपो यशस्वीपणान स्वदेशी तंत्रगिज्ञानाचो वापर करुन बांदल्या. भारताच्या अणू ऊर्जा प्रवासातलो हो एक इतिहासीक पावंडो अशें प्रधानमंत्र्यांनी म्हळा. पवन उर्जेच्या तांकीविशी उलयताना प्रधानमंत्र्यांनी भारताची पवन ऊर्जा निर्मितीची तांक ५६ गिगावॅटापरस चड जाला हाचेर भर दिलो.

मन की बात कार्यावळीत उलयताना प्रधानमंत्र्यांनी सद्या चालू आशिल्ल्या जनगणना मोहिमेचेर लेगित उजवाड घालो. दरेका भारतीयांक जनगणना मोहिमेविशी म्हायती आसूंकूच जाय अशें सांगताना तांणी म्हळे....

**हवामान**

गोंय वेदशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान 35 अंश सेल्सिअस तापमान जाल्यार उण्यांत उणे 27.9 अंश सेल्सिअस तापमानाची नों द जाल्या. मुरगांवांत चडांत चड 34.6 अंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यांत उणे 26.8 अंश सेल्सिअस तापमानाची नोंद जाल्या.

आयपीएल - ९०

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत, काल राती लखनऊत जाल्ल्या खेळात कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडान लखनऊ सुपर जायंटस पंगडाचेर सुपर ओव्हरीत जैत मेळयले.

पयली फलंदाजी करताना, कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडान ७ बाद १५५ धावंड्यो केल्ल्यो. उपरांत, लखनौ सुपर जायंट्स पंगडान लेगित निर्धारित २० षटकांत ८ बाद १५५ धावंड्यो केल्यो. त्याउपरांत जाल्ल्या सुपर ओव्हरीत कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडान जैत जोडले. काल जाल्ल्या आनीक एका खेळात गुजरात टायटन्स पंगडान चेन्नई सुपर किंग्स पंगडाक आठ गड्यांनी हारयले. आयज दिल्लीतल्या अरुण जेटली स्टेडियमात दिल्ली कॅपिटल्स आनी रॉयल चॅलेंजर्स बंगळूरु पंगडामदी सांजे साडे सातांक खेळ जातलो.

**एक कळोवणी**

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल २०२६ मेरेन अर्ज करूंक शकतात.

आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर एम्पॅनलमेंट खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयला. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026.